National news 07.08.2025 @ 6.30

मोदी 80

प्रधान नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला की भारत आपल्या शेतकार नुस्तेमार आणि दुग्ध उत्पादक शेतकऱ्यांच्या हिताकडे केन्नाच तडजोड करचो ना. आज नवी दिल्लीत एम.एस. स्वामीनाथन शताब्दी आंतरराष्ट्रीय परिषदेत उलयताना मोदी हाणी शेतकऱ्यांचे कल्याण हे त्यांच्या सरकाराचे सर्वोच्च प्राधान्य आसा हाचेर भर दिलो. सरकार शेतकऱ्यांचे उत्पन्न वाडोवपाक आणि शेतावेलो खर्च कमी करपाक सतत काम करता अशे सांगुन ताणी अधोरेखित केले की सरकारान शेतकऱ्यांची ताकद देशाच्या प्रगतीची बुन्याद म्हण वळखल्या डॉ. स्वामीनाथन हाणी भारताक अन्न उत्पादनात स्वयंपूर्ण करपाच्या चळवळीचे फुडारपण केले अशे तांणी सांगले

वेचणूक 40

वेचणूक आयोगान आज उपराष्ट्रपतीपदाच्या वेचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज दाखल करपाची अधिसूचना जारी केली. उपराष्ट्रपतीपदाखातीर नामांकन अर्ज या महिन्याच्या २१ तारखेमेरेन दाखल करपाक मेळटले आणि ९ सप्टेंबराक वेचणूक जातली. अधिसूचने प्रमाणअर्जांची छाननी २२ ऑगस्टक तर उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाची निमणी तारीख या महिन्याची २५ आसा

कामकाज 80

वेगवेगळया मुद्द्यांचेर विरोधी पक्षांच्या गोंधळाक लागुन लोकसभा दनपार १२ मेरेन आणि राज्यसभा दनपार २ मेरेन तहकूब केली. लोकसभेचे कामकाज सकाळी ११ क सुरू जाले तेन्ना सभापती ओम बिर्ला हाणी प्रश्नोत्तराचे वर सुरू करपाचो प्रयत्न केलो पुण विरोधी सदस्यांनी विशेष सघन सुधारणा मुद्द्यार चर्चा करपाची मागणी करत घोषणाबाजी सुरू केली. राज्यसभेतय अशेच दृश्य पळोवक मेळले. सकाळी ११ क सभागृह सुरू जाले तेन्ना उपसभापती हरिवंश हाणी म्हणले की त्यांका वेगवेगळया मुद्द्यांकडे संबंधित विवेगवेगळया राजकीय पक्षांकडच्यान २५ तहकूब सूचना मेळल्या पुण त्यो सूचना रद्द केल्यात

ढगफुटी 40

उत्तराखंडातल्या धारली आणि हर्सिल या उत्तरकाशी जिल्ह्यांत ढगफुटी आणि हुंवारा उपरांत तिसऱ्या दिसाय मदत आणि बचाव कार्य युद्धपातळीचेर सुरू आसा. मुख्यमंत्री पुष्कर सिंह धामी हे उत्तरकाशीत उपस्थित असून, परिस्थितीचेर वैयक्तिकरित्या लक्ष दवरतात. ताणी सांगले की, SDRF, NDRF लष्कर, ITBPआणि थळावे प्रशासन संयुक्तपणान पूर्ण तयारीन मदतकार्य करता.

राष्ट्रध्वज 70

सरकारान सगळ्या नागरिकांक राष्ट्रध्वजा बद्दलच्या ज्ञानाची चाचणी घेवपाक आणि देशव्यापी ऑनलाइन क्विझ स्पर्धेत सहभागी जावपाक आमंत्रित केला. ही क्विझ मेरा युवा भारत उपक्रमांतर्गत आयोजित केल्या आणि नागरिक त्यांच्या सहभागाची दखल घेत, सगळ्या स्पर्धकांक ई-प्रमाणपत्र दितले. ही क्विझ सहभागींक देशभक्ती वाडोवपाक आणि तिरंग्याबद्दल जागरूकता वाडोवपाक शैक्षणिक अनुभव दिवपाक डिझाइन केल्या सर्वाधिक गुण मेळोवपी पंचवीस सहभागींक केंद्रीय युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय यांच्या सहवासात सियाचीनाक भेट दिवपाची संधी दितले.

मुर्मू 60

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लीत ११ व्या राष्ट्रीय हातमाग दिसाच्या समारंभाचे अध्यक्षस्थानार आसली. केंद्रीय वस्त्रोद्योग मंत्री गिरीराज सिंह हाणी आज नवी दिल्लीत संत कबीर हातमाग पुरस्कार आणि राष्ट्रीय हातमाग पुरस्कार २०२५ प्रदान केले. ११ व्या राष्ट्रीय हातमाग दिसानिमित्त आयोजित मेळाव्यात उलयताना सिंह हाणी म्हणले की, आज जग शाश्वत कापड उत्पादनांची मागणी करता आणि भारतीय हातमाग उद्योग त्या गरजेची पूर्तता करता

SPORTS20

ॲथलेटिक्सत, भारताच्या अन्नू राणीन पोलंडातल्या आंतरराष्ट्रीय विस्लॉ मॅनियाक मेमोरियल सर्तीत बायलांच्या भालाफेक स्पर्धेत ६२.५९ मीटरच्या हंगामातल्या सर्वोत्तम प्रयत्नास यत भांगरापदक जिंकले

१७ सदस्यीय भारतीय पंगड आजपासून चीनातल्या चेंगडू हांगा १७ ऑगस्ट मेरेन चलपी जागतिक खेळा स्पर्धा २०२५त भाग घेवपाक सज्ज जाला. १९८१ पासून दर चार वर्षांनी जावपी या जागतिक खेळा स्पर्धांमदी ऑलिंपिक कार्यक्रमात समाविष्ट नाशिले खेळ दाखयतात . या वर्साच्या आवृत्तीत ३४ खेळ आणि ६० विषयांमदी २५३ पदक स्पर्धा आसतली

Imd 40

भारतिय हवामान खात्यान आयज सावन ह्या म्हयन्याचे तेरा तारखे मेरेन सिक्किमांतल्या जायत्या जिल्ह्यां खातीर हळडुवो इशारो जारी केला. ही इशारो गंगटोक, पाक्योंग, नामची, ग्यालशिंग आनी मंगन जिल्ह्यांक लागू जाता. हाका लागून भूंयकांप, रस्ते संपर्क विस्कळीत, अचानक हुंवार येवपाची शक्यताय आसा.